आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खबरो

Date : 24/09/2025 6.30 PM

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी भारताची अर्थीक सत्ता म्हूण वाडपी दर्जो वांगडाच सांस्कृतीक सत्ता म्हूण ताची अस्मिताय घटमूट करपाखातीर सामुहीक यत्न करपाची गरज अधोरेखित केल्या. ललित कला अकादेमीन आयज नवी दिल्लींत आयोजीत केल्ल्या 64व्या राष्ट्रीय कला प्रदर्शनाच्या पुरस्कार सुवाळ्यांत उलयतना ताणी सांगलें की . (बयतेस सेक ) संस्कृतीक दायज समृध्द करपावांगडा समाजांत चड संवेदनशीलताय वाडोवपाक कला हें एक बळिश्ट माध्यम आसा अशे ताणी मुखार सांगले.

केंद्रीय मंत्रीमंडळान आयज भारताची जहाज बांदणी आनी दर्यावेली पर्यावरण यंत्रणा पुनरुज्जीवित करपा खातीर 69हजार 725 कोटी रुपयांच्या पॅकेजीक मान्यताय दिल्या. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, (बयतेस सेक )

तशेच मंत्रीमंडळान आयज 10.91 लाख रेल्वे कर्मचाऱ्यांक78 दिसांचो 1हजार 865 कोटी रुपयां परस चड उत्पादकता लिंक्ड बोनस (पीएलबी) दिवपाक मान्यताय दिल्या. तशेच मंत्रीमंडळान वैज्ञानिक आनी उद्देगीक संशोधन खातें, डीएसआयआर/सीएसआयआर क्षमता निर्माण आनी मनीस संसाधन उदरगत येवजणेक 2हजार 277 कोटी रुपयां परस चड खर्च क मान्यताय दिल्या. वैष्णव हांणी सांगलें, देशांतल्या पदव्युत्तर आनी पदव्युत्तर वैजकी शिक्षण क्षमतेच्या व्हड विस्ताराक मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या, तातूंत केंद्रीय प्रायोजीत येवजणेच्या तिसऱ्या टप्प्यांत पदव्युत्तर सुवाती जोडल्यात आनी सीएसएसच्या विस्ताराक लागून 5,023 एमबीबीएस जागे तयार जाल्यात. अर्थीक वेव्हार मंत्रीमंडळ समितीन आयज बिहारांतल्या बख्तियारपूर-राजगीर-तिलया रेल्वे मार्गाक 2,192 कोटी रुपया खर्च करून दुप्पट करपाक मान्यताय दिल्या बिहारांत एनएच-139डब्ल्यूचो फोर लेन साहेबगंज-अरेराज-बेतिया विभाग हायब्रिड मोडाचेर बांदपाक मान्यताय दिल्या,

शेती मळान देशा खातीर इंधन आनी उर्जा उत्पादनाचे दिकेन वचपाची गरज आसा अशें केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी हांणी स्पश्ट केलां. शेतवडींतल्यान उर्जा तयार करपाचे यत्न वाडोवपाक लागून ग्रामीण अर्थवेवस्थेक आदार मेळटलो असो विस्वास तांणी उक्तायलो. भारत जैव उर्जा आनी तंत्रज्ञान प्रदर्शनाच्या दुसऱ्या भागाचें उक्तावण आयज नवी दिल्लींत मंत्री गडकरी हांणी केलें. त्या वेळार ते उलयताले . (बयतेस१8 सेक ) .

भारतात फुडल्या पांच वर्सांत नितळ उर्जा वाडोवपाखातीर अनुकूल परिस्थिती आसा अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां. न्यूयॉर्कांत जाल्ल्या अमेरिके-भारत रणनिती भागीदारी मंचाचेर उलयतना गोयल हांणी सांगलें, निवळ उर्जेची क्षमता 250 जीडब्ल्यू वयल्यान 550 जीडब्ल्यू मेरेन वाडोवपाचो सरकाराचो हेत आसा. फुडल्या वर्सांनी अमेरिके वांगडा  उर्जा उत्पादनांचो वेपार वाडोवपाची आस्त सरकारान उक्तायल्या. अणुऊर्जेचेर भारत आनी अमेरिका सहकार्याची येवजण आसूं येता अशें गोयलान सांगलें.

भारतीय हवामान खात्यान आयज ओडिशा आनी छत्तीसगडांत घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेच फुडल्या दोन ते तीन दिसांनी ईशान्यबिहार, दर्यादेगेवेलो आंध्र प्रदेश, उदेंत मध्य प्रदेश, अस्तंत बंगाल, झारखंड, तेलंगणा, आनी विदर्भाच्या कांय वाठारांनी चड पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें खात्यान सांगलां.

आशिया कप टी-20 क्रिकेट खेळात आयज भारत बांगलादेशा आड खेळटलो. हो खेळ राती 8 वरांचेर सुरु जातलो . आयचे मॅचींत जैतिवंत जाल्ल्या पांगडाक फायनलींत सुवात मेळटली.

***********